# शाश्वत विकासा खातीर सरकार ब्लू अर्थवेवस्थेक चालना दितले- मुख्यमंत्री

ता. 28 फेब्रुवारी 2025

राज्यांत ब्लू अर्थवेवस्थेक चालना दिवन शाश्वत विकासाचे उद्दीश्ट आसून जर्मनीतल्या लीबनिझ इन्स्टिट्यूट फॉर बाल्टिक सी रिसर्च वॉर्नमुंडे ह्या संस्थेवांगडा केल्ली समजीकाय कबलात ही दर्यांत संशोधनाक प्रोत्साहन दिवपाच्या दिकेन उबारिल्ले एक पावल आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय विद्यापीठात जर्मनीतल्या लीबनिझ इन्स्टिट्यूट फॉर बाल्टिक सी रिसर्च वॉर्नमुंडे आनी गोंय विद्यापीठामदी जाल्ल्या समजीकाय कबलाती वेळार उलयतना सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, ब्लू अर्थवेवस्थेत महासागर, समुद्र आनी दर्या वाठारांतल्या विविध अर्थीक उपक्रमांचो आस्पाव आसून ह्या क्षेत्रांत शाश्वत विकासाची गरज आसा आनी त्या खातीर सरकार ही समजीकाय कबलात यशस्वी करपाक सगळे तरेन सहकार्य करतले.

पर्यावरण मंत्री श्री आलेक्स सिक्केरा हांणी ह्या कबलातीक लागून सागरी संशोधन मोहिमे खातीर मार्ग मोकळो जातलो आनी दर्या वाठारांत ऑप्टिकल तंत्रज्ञानाचो वापर करून संशोधन करपाक मेळटले, अशें सांगलें. सैमिक संसाधनांचो योग्य वापर करून शाश्वत विकासाचो पर्याय निवडपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रा. हरिलाल मेनन हांणी येवकाराच्या भाशणात समजीकाय कबलातीचो उद्देश सांगतना उदका पोंदच्या जीवावळीचो सोद घेवपाक, सागरी संसाधनांचे संवर्धन आनी शाश्वत विकास आनी योग्य वापर करपाच्या दिकेन म्हत्वाचे पावल आशिल्ल्याचे सांगलें.

जर्मनीतील लीबनिझ इन्स्टिट्यूट फॉर बाल्टिक सी रिसर्च वॉर्नमुएंडेचे संचालक प्रा. डॉ. ऑलिव्हर झिएलिन्स्की हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

कार्यक्रमाक स्कूल ऑफ बायोलॉजिकल सायन्सेस अँड बायोटेक्नॉलॉजीचे डीन प्रो. एस. कृष्णन, स्कूल ऑफ केमिकल सायन्सेसचे डीन प्रो. विध्यादत्त वेरेंकर, लीबनिझ इन्स्टिट्यूट फॉर बाल्टिक सी रिसर्च वॉर्नमुएंडे, जर्मनीतले भौतिक समुद्रशास्त्र आनी उपकरण विभागाचे संचालक प्रो. हान्स बर्चर्ड, स्कूल ऑफ फिजिकल अँड अप्लाइड सायन्सेसचे डीन सीनियर प्रो. रमेश पै, इंटर्नशिप, इन्क्युबेशन अँड इंडस्ट्री पार्टनरशिपचे संचालक प्रो. संदीप गर्ग, हेर प्राध्यापक, कर्मचारी आनी विद्यार्थी उपस्थित आशिल्लें.

रिनू मिनेझिस हांणी कार्यावळीचे सूत्रसंचालन केले. गोंय विद्यापीठाचे कुलसचिव प्रा.सुंदर धुरी हांणी उपकारमानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/193

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.